मौग किनारी

अरुण साखरदांडे

मेल्विन बाबाक,
भोव मोगान

नूतन साखरदांडे
१०-१-०८

मोग किनारी

अरुण साखरदांडे

नूतन प्रकाशन

मोग किनारी
(कोंकणी कविता झेलो)
अरुण साखरदांडे

Mog Kinari
(Poems by Arun Sakhardande)

© नूतन साखरदांडे

प्रकाशन क्र. 4
पयली उजवाडावणी : डिसेंबर 2008

मुखचित्र :
आर्नोल्ड नोरोन्हा

अक्षर जुळणी :
रिया ग्राफिक्स,
ओल्ड गोवा

छापणावळ :
सह्याद्री ऑफसेट सिस्टम,
खोर्ली - तिसवाडी

उजवाडावपी :
नूतन साखरदांडे
नूतन प्रकाशन,
'काव्यांगण',
सी - 3 बेप्सीन रेसिडन्सी, वीज खात्या लागीं,
अन्साभाट, म्हापशें - गोंय - 403507

मोल : एकशें वीस रुपया

गुरुदत्ताच्या ‘प्यासा’क

हांवें फुलां मागलीं
तुवें कांटे दिले
तूं म्हणटलें...
पोरण्यो यादी आतां कोणाक याद उरल्ल्यात?
पुणून एक सांगूं?
तुवें दिल्ल्या कांट्यांक आयज फुलां आयल्यांत

मांडावळ

आयज आयलो ऋतु वसंत • 1

काळजांत तुजी याद घेवन गो • 2

मेथयेचें झाड • 3

सोद • 4

पाखो • 5

सदाफुली • 6

रातराणी • 7

चुकामूक • 8

वसंत • 9

मोगाबांदारी • 10

काळजांत म्हज्या • 12

तूं गो आयलेंना • 13

जाल्यार • 14

रेंवेंतलीं पावलां • 15

दुबाव • 16

गांठ • 17

भलायकी • 18

ना • 19

आतां • 20

स्वास • 21

लॅन्स • 22

कळो • 23
सांज • 24
मळब • 26
नाद • 28
रातभर • 29
मोगाचे रूख • 30
पावस - 1 • 32
तें येतलें आज • 34
मोग किनारी • 37
वाटेवयलीं झाडां • 38
रक्तफुलां • 39
हो चंद्र तुजो • 41
वेळेर • 42
दर्या • 44
वचूं नाका परत सखी • 46
राधेकृष्ण • 48
सांगप • 50
वेळ • 52
व्होल्त • 54
शिरती • 56
अंतर • 58
आयजूच • 59
पोले गोरे गोरे • 60

तुज्या दोळ्यांत • 62
मोरपांखां • 64
इंद्रधनुश्य • 67
रास • 68
दर्यादेगेर • 70
पावस - 2 • 72
दोन दुकां • 74
जाणीव • 76
विसर • 78
निळो गुलाब • 80
ओगीच न्हय • 82
वडापुनव • 83
भेट • 84
जिवीत • 85
राग • 86
संवसार • 88

आयज आयलो ऋतु वसंत

आयज आयलो ऋतु वसंत
वाजलीं तुजीं गो पांयजणां
याद तुजी काडीत राती
कितल्यो गेल्यो कोण जाणा

मोगरी कशी फुलून आयली
कोमरेलीं मनां पानां
मनांतल्या मनांत तुजीं
किणकिणलीं तीं कांकणां

आंब्यारुखा गायता कोगूळ
सुखा दुखा गोड कवनां
कोणा खातीर कोण जाणा
मोर नाचती रानां वनां

वाट तुजी पळेत पळेत
सांवरीचीं फुटलीं बोणां
काळजांत म्हज्या आमोरेचीं
पाचवींचार रुजलीं तणां

20-8-1985

काळजांत तुजी याद घेवन गो

काळजांत तुजी याद घेवन गो
आयलां तसो परतून वेतां
घोंटेर नाशिल्लो एक पक्षी
कोण जाणा खंयसर वेता

दोळ्यांत रुजयिल्लीं निळीं सपनां
गांठीक बांदून परतून वेता
घोंटेर सोदपी एक पक्षी
कोण जाणा खंयसर वेता

मायेमोगाची रातराणी
निकतीच खंय फुलताली
तीच हुमटून वेंगेंत धरून
दुकां लिपयत परतून वेता

सपन खूबदां सपनूच उरता
मागल्यार फुलां कांटे मेळटा
घोंटेर सोदपी एक पक्षी
कोण जाणा खंयसर वेता

15-10-1985

मेथयेचें झाड

म्हज्या पोरसांत
तें मेथयेचें झाड...

तूं आशिल्लें तेन्ना
हांव तुकां मेथी खुटून दितालों

तुज्या हातार चित्रायिल्लें
मेथयेचें केशरी चान्नें
हांवें सामकें लागच्यान नियाळ्ळां
आजुनूय नियाळीन दिसता

आतां कोणूय
ते मेथयेचीं पानां बुड्डून व्हरतात
तेन्ना म्हजें मनूच पिसुडिल्ले वरी जाता

फकत तुजेच खातीर
हांवें तें मेथयेचें झाड लायिल्लें
हें तांकां हांव कशें सांगूं?

23-2-1986

सोद

तुटून पडिल्लीं नखेत्रां
हांव केन्ना सावन पुंजायतां काय?
वेळा अवेळा याद करतां
घरांत, तुटून पडिल्ल्या नखेत्रांची
ही व्हडली रास जाल्या.

केन्ना केन्ना एक पोरणी याद येता
तूं फाट करून गेलें
तेन्ना तुटून पडिल्लें एक तेजाळ नखेत्र मात
आज ते राशींत सोदुनूय सांपडना

19-03-1987

पाखो

तुजे साडयेवेलो
एक रंगीत पाखो
म्हज्या बुशकोटार येवन बसला
तेन्ना सावन दर एकलो विचारता
खंयचो रे हो पाखो?

अपुरबायेन
एक दीस लेगीत
तो बुशकोट घालपाची माणसुकी ना.

24-05-1987

सदाफुली

तुजी चड याद आयली
तेन्ना हांवें सदाफुली लायली
तुजी याद येता तशी ती
चड फुलताली.

पुणून आतां मात उरफाटेंच जालां
ती चड फुलता
तशी म्हाका तुजी चड याद येता.

10-06-1988

रातराणी

रातीं
सपनांत हांव तुगेर आयिल्लों जावये
सकाळीं
म्हज्या सगळ्या आंगाक
तुमगेले रातराणयेचो गंध येतालो...

20-08-1988

चुकामूक

हांव तुका जेन्ना जेन्ना
मेळूंक म्हूण येतां
तेन्ना तूं कोणा दुसऱ्याक
मेळूंक गेल्लें आसता

25-08-1988

वसंत

फुल्लीं झाडां भुल्लीं पानां
पाचवीं पेडां हांसलीं रानां
वसंत आतां गायता राग
जायतें तुका म्हणटा माग

मोरपांखां दोळे मागूं?
तुजे ओंठां-कळे मागूं?
काय तांबशे पोले मागूं?
तुजे केंस ओले मागूं?

मोगा सपन निळें मागूं?
काय दुख्खा-तळें मागूं?
सात जल्म देणें मागूं?
फाटलें रीण येणें मागूं?

मागता तें मेळटलें?
उतर मोनें धरतलें?

24-2-2002

मोगा बांदारी

मोगा बांदारी
कोंब्या सादारी
पाना खाला घुमता कोण
फांत्यापारारी

मोगरे झाडारी
फुलां फुलांरी
इगर्जे घांटी सादार
खेळ गो शेतारी

दर्या गाजारी
न्हय गो काजारी
आमोरे ल्हारा देगेर
मेळ गो वेळेरी

बस गो शेजारी
सांग गो कानारी
कितले तीळ मेजूं तुज्या
तांबड्या पोल्यारी

नाच गो रेंवेरी
ऊड गो बळारी
केंसांतुल्या ल्हारांवरी
वेळ गो फेणेरी

27-10-2002

काळजांत म्हज्या

काळजांत म्हज्या
घांट कोण वाजयता?
दोळ्यांत म्हज्या
दुकां कोण गळयता?
सपनांत म्हज्या
हळूच कोण सपनेता?
पावलार म्हज्या
पावल कोण दवरता?
झाडाक म्हज्या
उदक कोण शिंपता ?
मनांत म्हज्या
वात कोण लायता?
यादीन म्हजे
रात कोण जागयता?
वाटेर म्हजे
वाट कोण पळयता?

1-11-2002

तूं गो आयलेंना

सोदलीं रानां सोदलीं मनां
तूं गो मेळ्ळेंना
सोदलें झाड, चडलों माड
तूं गो दिसलेंना

सोदलीं शेतां, सोदलीं भाटां
तूं गो गावलेंना
देवा मुखार मारल्यो घांटी
तूं गो पावलेंना

अमुरपिको मारलो उलो
तूं गो रावलेंना
जागल्यो राती पेटल्यो वाती
तूं गो भेटलेंना

अमुरपिको मारलो उलो
तूं गो रावलेंना
जागल्यो राती पेटल्यो वाती
तूं गो भेटलेंना

पळोवन म्हाका सगळीं हांसलीं
तूं गो हांसलेंना
काजरा म्हज्या सगळीं आयलीं
तूं गो आयलेंना

25-11-2002

जाल्यार

तुजी खबर
घेतलों घेतलों
म्हणटां म्हणटां
दीस गेले.
वर्सां गेलीं
केंस पिकले
आनी झडलेय बी
आतां तुजे सामकार
उबो रावलों
आनी तूं म्हाकां वळखलेंना
जाल्यार?

11-12-2002

रेंवेंतलीं पावलां

रेंवेंत उदेल्लीं
तुजीं सोबीत पावलां
सोदीत आयिल्लों हांव
उबो आसां
अथांग दर्या सामकार
वेळे वयल्या ल्हारांनी
तुजीं पावलां पुसून व्हेलीं
म्हजे पांय ल्हारांनी भिजयल्यात
आतां म्हजींय पावलां दिसनात
तूं खंय आसा?
पुसून गेल्ल्या पावलांनी
हांव आतां तुका खंय सोदूं?

11-12-2002

दुबाव

तूं म्हाका फाट करून गेलें
म्हूण म्हजें कांय वायट जालेंना
तूं म्हज्या जिवितांत
आयिल्लें जाल्यार
म्हजो गोबर जावपाचो
हाचो म्हाका दुबाव ना
पूण त्या गोबरांतसून
नवीं पांखां घेवन
हांव अंतराळांत उडटलों आसलों
हाचेर तुजो विस्वास बसत काय?

म्हाका दुबाव आसा

1-1-2003

गांठ

तुजी याद आयली की
हांव केंसांक एक गांठ मारतां
परत तुजी याद येवची म्हूण
आतां गांठ नाशिल्लो
एकूय केंस तकलेर उरूंक ना
पयर हॅर कटींग सलुनांत गेल्लों
थंय सांगलें
सगळ्यो गांठी सोडोवन यो
मागिरूच केंस मारतां
तेन्ना सावन हांव
केंसांच्यो गांठी सोडयत बसलां
खंयच्यो गांठी मारल्योशें जालां.
एक लेगीत गांठ उरली जाल्यार
म्हजे केंस काय कोण मारीतसो दिसना

14-1-2003

भलायकी

दर खेपे
तुज्या घरा सामकारसून वतना
जनेलांत तूं दिसता काय म्हूण
हांव पळयतां
पूण
दर खेपे म्हाका तुजी आवय जनेलांत दिश्टी पडटा
आनी हांव हळूच नळी मारतां
आज अचकीत तूंच जनेलांत दिसलें
तुजे आवयची भलायकी बरी आसा मुगो?

5-2-2003

ना

हांव एकटोच आसां
तूंय बी एकटेंच आसा
हांवें तुका विचारलें
'चल गो, फिरूंक वचुया'
तुवें म्हळें 'ना'
हांवें तुका विचारलें
'चल गो, दर्याविळेर बसुया'
तुवें म्हळें 'ना'
हांवें तुका विचारलें
'चल गो आमी सिनेमाक वचुया'
तुवें म्हळें 'ना'
हांवें तुका विचारलें
'चल गो चान्न्यांत न्हावया'
तुवें म्हळें 'ना'
हांव मात तुका विचारिना
'चल गो, आमी लग्न जावया'
तूं 'हय' म्हणीत म्हूण म्हाका भंय दिसता

5-2-2003

आतां

पयलीं
तुजी याद येताली
आनी मागीर
दोळ्यांतसून दूक गळटालें
आतां
केन्नाय अचकीत
दोळ्यांतसून दूक गळटा
मागीर कळटा
तुजी याद आयल्या

11-2-2003

स्वास

जायेचें फूल पळेलें - झाडावेलें
की म्हाका तुजी याद येता
तुकाय बी
आवडटा न्ही गो जायेचें फूल
झाडावेलें?
आनी
जायेच्या फुलाक नाक लावन
तिच्या गंधाचो स्वास घेवपाक
खोल खोल काळजांत?
अजून आसा गो
पुनवेरातीचे जायेचो
तो स्वास
खोल खोल
तुज्या काळजांत ?

10-3-2003

लॅन्स

खूब वर्सांनी तूं दिसलें
हांवें तुका म्हळें
आगो तूं बदल्लें,
पयलीं सारकें दिसना
तुवें म्हळें
'वक्ल काडून पळय
हांव आसां तशेंच आसा
तूंच बदल्ला.'

हांवें विचारलें
तुका अजून वक्ल लागूंक ना?
तुवें म्हळें
'हांवें लॅन्स घाल्या'

24-4-2003

कळो

तूं आमगेर आयिल्लें
तेन्ना तुवें लायिल्ले सदाफुलीक
कालूच कळो आयलो
आनी आयज
ताचें फूल फुल्लां
धवेंफुल्ल हांसरें
काळजांतलें साळीक कशें

पूण ताका उदक घालपाक
तूं आतां येवचें ना
हें ताका खबर ना

कितें करूं?

सांगूं ताका?

7-5-2003

सांज

दर्याक भरती आयली
तेन्ना तुवें 'वतां' म्हळें
हांवें तुका सांगलें
सुर्या अस्तमलो कीं वच
सुर्या अस्तमलो
तेन्ना तुवें वतां म्हळें
हांवें तुका सांगलें
देवळांत घांट जाली कीं वच
इतल्यान देवळांत घांट जाली

तेन्ना तुवें वतां म्हळें
हांवें तुका सांगलें
चंद्रीम उदेलो कीं तूं वच
मागीर चंद्रिमूय उदेलो
तेन्ना तुवें वतां म्हळें
हांवें तुका सांगलें
आतां आनीक कित्याक वता?
तेन्ना तूं हांसलें
मळबांतल्या नखेत्रां वरी
आतां
दर्याक भरती येता
सुर्या अस्तमता
देवळांत घांटी वाजतात
चंद्रिमूय उदेता
पूण तूं आतां येना
म्हूण हांव तुकां 'वचूं नाका'
अशें म्हणूंक पावच ना पळे

8-5-2003

मळब

कमरे मेरेन पाविल्ल्या
तुज्या दाट केंसांतल्यान
अळंग हात भोंवडायतना
हांवें तुका म्हणिल्लें
तूं केन्नाच केंस कापूं नाका.
तेन्ना तुवें म्हळें
'दर दिसा न्हातकच
तूं म्हजे केंस वळयतलो तर?'
हांवें म्हळें

'तातूंत कितें?
म्हाका काळ्या कुपांतसून
फणी फिरोवन पावस झडोवचो अशें दिसता
आनी अमाशे रातीं
काळ्या मळबांतलीं नखेत्रां वेंचून
तुज्या केंसांत माळचीं
अशें दिसता.

पयर कितल्या वर्सांनी
तुजे कापिल्ले केंस पळोवन
म्हजे सगळें मळबूच
रितें जाल्ले वरी दिसलें
ना कुपां
ना नखेत्रां
आनी पावस?

24-10-2003

नाद

सांजवेळा
सुकणीं घोंटेरांत परततना
तूं पारजताचीं फुलां वेंचता म्हूण
हांव पयलींच
त्या पारजताच्या झाडार लिपून बसलों

पांयांतलीं पायजणां वाजयत तूं आयलें
आनी पारजताचीं फुलां वेंचूंक लागलें
हांवें हळूच वयल्यान झाड हालयत
तुजेर फुलांचो शिंवर घालो
तूं शिरशिरलें
आनी कोणाचे तरी यादीन
एक एक फूल पुंजायत परतलें
पांयांतलीं पांयजणां वाजयत
वयर पळेनासतना

तो नाद
म्हाका अजून आयकूंक येता
खंयच्याय
फुलून झडटल्या
पारजता पोंदा

केन्नाच्यान झडूंक लागले काय हे पारजत?
अशे हालयनासतना

24-10-2003

रातभर

रात जाली वात
आनी पेटत रावली
काळजा भितर
रातभर
पेटत गेलें काळीज
पेटत गेल्यो वाती
आनी पेटत गेल्यो यादी
तुज्यो
रातभर
आनी त्या हुलपांत
तळमळत आसतलें
तूंय बी
खंय तरी
सपनांत
रातभर

24-10-2003

मोगाचे रूख

तूं म्हाका सोडून वतना
तुज्या दोळ्यांतल्यान
एक दूक गळ्ळें
म्हज्याय दोळ्यांतल्यान
एक दूक गळ्ळें
मागीर मिर्गाच्या पावसांत
त्या जाग्यार
दोन आंकूर फुटले
कांय वर्सांनी
ते दोन रूख ऊंच मळबाक तेंकले

आतां त्या रुखां पोंदा
एकामेकाच्या गोपांत
चलो आनी चली
एकामेकांक उतर दितात
आनी मागीर
उतराची याद म्हण
रुखाचें एक एक पान घेवन वतात
त्या रुखा पोंदा दिल्लें उतर तुटना
अशें लोक म्हणटात
त्या रुखांक तांणी नांव दिलां
मोगाचे रूख

तूंय केन्ना हेवटेन पावलें जाल्यार
मुद्दम त्या रुखांक पळोवन वच
हांव थंयच
तांच्या आडसाक खंय तरी आसतां
हांव जाणां
जरी म्हजे केंस पिकले
तरी तूं म्हाका वळखतलेंच

24-10-2003

पावस – 1

तुजी याद येता
तेन्ना
थंड वारें व्हांवता
आनी पयसुल्ल्यान येवपी
काळ्या कुपांची सुलूस लागता

मन दाटून येता
आनी काळजांतल्या दोंगरा पलतडच्यान
गच्च धवो धवो पावस
लागीं लागीं येता
तुज्यो आकूळपिकूळ यादी घेवन
तो पावस
म्हाका भिजयता, न्हाणयता
घोग्यांनी पडूंक लागता
म्हज्या मनांतलो सैम

खोशयेन शिरशिरता
पावसाचें उदक व्हांवूंक लागता
सकले वटेन
व्हाळ व्हांवतात
न्हंयो भरतात
आनी काळजांतल्या दर्याक
उपाट भरती येता
भरतेचें उदक
काळीज भरून
मन भरून
दोंळ्यां वटयां व्हांवूंक लागता
त्या उदकाचे ते थेंबे
जेन्ना ओंठांक स्पर्श करतात
तेन्ना खारट लागतात
तुज्यो यादीय आतां
दिसानदीस खारट जायत चल्ल्यात

24-10-2003

तें येतलें आयज?

सकाळीं फुडें
हांवें जेन्ना दार उगडलें
तेन्ना दारा मुखार
घरच्या पारजतान
फुलांचो शिंवर घाल्लो

थरथरत
झडझडत
ताणें म्हाका विचारलें
'आरे तें येतलें आयज?'

आंगणांत
तुळशी मुखार,
काळजांतल्या रक्तावरी
तांबड्या मोट्ट्या फुलांची दसण
आंगभर फुलून हांसताली
तिणें म्हाका विचारलें
'तें येतलें आयज?'

दनपारां
बांयचेर न्हावपाक
कळसुलेंतल्यान उदक काडटना
बांयंतल्या तरणाट्या कांसवान
सूर करून वयर येवन
म्हाका विचारलें
'तें येतलें आयज?'

आमच्या चंवरिल्ल्या आंब्यार
घोंटेर केल्ल्या कावळ्यान
कांव कांव करून आड्डत
दोळो मारीत
वांकडी मान करून
म्हाका विचारलें
'तें येतलें आयज?'

घरा फाटल्या पणसा वयले
चानयेन आंग फुलोवन विचारलें
'तें येतलें आयज?'

सांजेवेळा
तुळशी मुखार पणटी लायतना
म्हाका हुंबऱ्यार बशिल्लो पळोवन
आवयन म्हळें
'आरे, असो तळमळटा कित्याक दीसभर?
तें येतलें आयज?'

हांवें म्हळें,
'आये,
तूं जाणा
तें केन्ना सांगून येता?'

इतल्यान
आमच्या घरचे वाटे वयले
सांवरे वयली साळोरी
बोवाळत आयली
'कोण तरी चली
येता तुमचे वाटे वयल्यान
निळी साडी न्हेसून'
तें आयकून हांव पाचवोचार जालों

आनी म्हाका फटयलो म्हूण
साळोरी मोट्यामोटच्यान हांसूंक लागली

6-11-2003

मोग किनारी

दर्यावेळेरी
काळजा देगेरी
ऊड गे बळारी
मोग किनारी

तना तनेरी
दोळ्यां दोळेरी
नदरे पेल्यारी
मोग किनारी

पावसा झडेरी
उतरां मोनेरी
थेंब्या थेंब्यारी
मोग किनारी

सपना कडेरी
दुखां सुखेरी
जिणे वाठारी
मोग किनारी

उदका फेणेरी
चान्नें कणेरी
मळबा देंठारी
मोग किनारी

फांत्या पारारी
कोंब्या सादारी
ओंठां ओंठांरी
मोग किनारी

23-11-2003

वाटे वयलीं झाडां

तूं हे वाटे वयल्यान गेलां
हें म्हाका कशें कळटा सांगूं?
आगो
तूं वता तशीं तुजे वाटे वयलीं झाडां
फुलत वतात
आनी त्या फुलांचो गंध घेत
हांव पावलां मारीत आसतां
तुजे फाटल्यान
पूण
आज इतल्या वर्सांनी
म्हाका दुबाव येवंक लागला
तूं खंय तरी नाच्च जालां
आनी
हांव पिसो कसो भोंवतां म्हूण
म्हाका हांसत
म्हजीं फकांणां करीत
एकामेकांक खुणायत
हांव हे वाटेन येतां म्हूण
फुलता मुगो तीं
वाटे वयलीं झाडां?

30-12-2003

रक्तफुलां

मोगाचें झाड
लायलें म्हूण जायना
ताका शिंपचें पडटा
दरेका दिसा
उदकान
केन्ना केन्ना
दोळ्यांतल्या दुकांनी
तरी तें फुलताच अशें ना

केन्ना केन्ना तें रगत मागता
काळजांतलें
तांबडें दाट
मोगाचो हुंवार येता
काळीं कुपां आनी वादळ घेवन
अमाशेचे रातीं
तेन्ना तें पिशावरी खुबता
आनी प्राण मागता
दोळ्यांतल्या दुकांनी
काळजाच्या रगतांत शिंपिल्लें
मोगाचें झाड मरचें न्ही
म्हूण कांय जाण प्राणूय दितात
मागीर मात तें झाड फुलता
रशरशीत तांबड्या फुलांनी, पुनवे रातीं
पूण जांणी प्राण दिले
तांकां मात पळोवंक मेळना
मोगाच्या झाडाचीं तीं तांबडीं फुलां
चान्न्या दोळ्यांचीं

30-12-2003

हो चंद्र तुजो

हो चंद्र तुजो
तो सुर्या म्हजो
हें मळब तुजें
तो दर्या म्हजो

तीं नखेत्रां तुजीं
ही धर्तरी म्हजी
हीं सगळीं फुलां तुजीं
हीं सगळीं झाडां म्हजीं

ह्या तळ्यांतलीं सगळीं साळकां तुजीं
ह्या तळ्यांतलें सगळें उदक म्हजें
म्हज्या काळजांतलीं कवनां तुजीं
तुज्या दोळ्यांतली सपनां म्हजीं

आरेच्च्या ! आनी हांव कोणाचो ?
तूंय तरी कोणाचें गो?

31-12-2003

वेळेर

वेळेर
आमच्या पांयां भोंवतणीं
जेन्ना ल्हारां खेळटालीं
सुर्या हांसतालो
आनी मळब लजतालें
तेन्ना हांवें तुका सांगलें
तुजी दुख्खां म्हाका दी
आनी म्हजीं सुखां तूं घे
तेन्ना तुवें म्हळें,
तुजीं सुखां घेवन हांव कितें करतलें?
तुजीं सुखां तीं तुजीं सुखां

तीं म्हजीं सुखां कशी जातलीं?
आनी म्हजीं दुख्खां तुका दिवपाक
म्हजे कडेन दुख्खां आसूं नाकात?
हांव जिवीतभर फकत सुखांच वेंचतलें
आनी तींय बी म्हजींच?

हांवें कितें म्हणचे पयलींच
तूं सट्ट करून उठलें
आनी सडसडीत चलूंक लागलें

पांयां भोंवतणचीं ल्हारां
खेळत खेळत पयस पाविल्लीं
सुर्या केन्नाच बुडिल्लो
मळब काळसर जातालें
दोळ्यां सामकार
उकतो उकतो खोल दिगंत दर्या

2-1-2004

दर्या

तुज्या निळ्या निळ्या दोळ्यांत
म्हजेंच बिंब नियाळटना
हांव तुज्या दोळ्यांतल्या खोल दर्यांत
केन्ना बुडलों तें कळ्ळेंच ना
तरी बरें म्हाका पेंवंक येता म्हूण.
हातपांय मारीत
वयर सरलो कसो तरी
पूण तुज्या दोळ्यांतल्या दर्याचें काळेंकिट्ट उदक
कसलें कोण जाणा!
इतलीं वर्सां जालीं तरी

कात म्हजी आजुनूय झडत आसा
आनी उकत्यो पडल्यात
म्हज्यो शिरो
आनी दिसता तातूंतल्यान व्हांवता तें तांबडें रगत
पूण तेंय बी आतां काळें जायत चल्लां
कितलीं वखदां केलीं
पूण कुडींत चडिल्ल्या विखाक
कोंबऱ्यो फुटत आसात
चोंय वटयां

पूण आजुनूय दिसता
खंयच्च्या तरी दोळ्यांत
दर्या आसतलो
शितळ अमृताचो
आनी तातूंत बुचकळून
म्हज्या देहाक फुट्टली नवी कात
फांतोडेच्या सुर्याच्या कंवळ्या किरणांची

4-1-2004

वचूं नाका परत सखी

वचूं नाका परत सखी
काळीज म्हजें तुट्टलें
अमुरपिकें बोर बोरीर
वाऱ्या वांगडा झडटलें

वचूं नाका परत सखी
भान पिशें सुट्टलें
सांवरे झाडार वोता कडार
यादी बोंड फुट्टलें

वचूं नाका परत सखी
मना रान बावतलें
आंब्या पानार कोगळा सादार
चंवर उतर जळटलें

वचूं नाका परत सखी
दोळ्यां थेंब खळटले
गगन मळबा अंबरा
काळें कूप हुबतलें

वचूं नाका परत सखी
न्हंये उदक सुकतलें
रेंवे तळा स्वासा बगर
पंचप्राण उडटले

24-1-2004

राधेकृष्ण

तूं सद्दां सांजे कृष्णाच्या देवळांत वता
हें कळटकच
हांव देवळावाटेर उबो रावलों
पळेत जाल्यार तूं दुसरेच वाटेन देवळांत पावलें
दुसऱ्या दिसा हांव
दुसरे वाटेर उबो रावलो
तर तूं तिसरे वाटेन देवळांत पावलें
म्हण हांव तिसऱ्या दिसा तिसरे वाटेर उबो रावलों
तर तूं चवथे वाटेन देवळांत पावलें
आतां तुका कशें तरी भेटचेंच
म्हण हांव पांचवे वाटेर उबो रावलों
तर तूं सवे वाटेन देवळांत पावलें
आतां पांचवे वाटेर उबो रावचें
काय सातवे
हें येवजिता म्हणसर
तूं आठवे वाटेन देवळांत पावलें
म्हूण शेवटाक हांव देवळांतूच वचून बसलों
गर्भकुडी मुखार
हांवें दोळे मेटले
आनी हात जोडले

कृष्ण मुरली वाजयतालो
आनी राधा ताका तोखेताली

कांय वेळान दोळे उगडून पळेत जाल्यार
म्हजे भोंवतणीं लोक बशिल्ले
कोणे तरी म्हज्या हातांत टाळ दिले
भजन सुरू जालें
जय जय कृष्ण
राधेकृष्ण
जय जय कृष्ण
राधेकृष्ण
गोकळांत न्हंयेचे देगेर कृष्ण मुरली वाजयतालो
कृष्णा कुशीक राधा
आनी गोऱ्यो गोऱ्यो गोपी
तांचे भोंवतणीं फेर धरून नाचताल्यो
जय जय कृष्ण राधेकृष्ण

टाळ वाजोवन वाजोवन
म्हजे हात मोडूंक पावले
संवय नासली की
मागीर हें अशें जाता

16-3-2004

सांगप

तुवें जर म्हाका सांगिल्लें
तूं उलोवं नाका
तर हांव आयुश्यभर उलोंवचो नासलों

तुवें जर म्हाका सांगिल्लें
तूं न्हिदूं नाका
तर हांव आयुश्यभर न्हिदचो नासलों

तुवें जर म्हाका सांगिल्लें
तूं हांसूं नाका
तर हांव आयुश्यभर हांसचो नासलों

तुवें जर म्हाका सांगिल्लें
तूं रडूं नाका
तर हांव आयुश्यभर रडचो नासलों

तुवें जर म्हाका सांगिल्लें
तूं जगूं नाका
तर हांव आयुश्यभर जगचो नासलों

तुवें जर म्हाका सांगिल्लें
तूं स्वास घेवं नाका
तर हांव आयुश्यभर स्वास घेवचो नासलों

पूण हें सगळें सांगून कितें उपेग?
तूं तर म्हाका कांयच सांगिनासतना गेलें

18-3-2004

वेळ

तुजे तिकलेचो तांबडो सुर्या
दर्यांत अस्तमताना
मळबूय लजून तांबशें जाता,
तुज्या पोल्यावरी
आनी पयसुल्ल्यान
कितल्योश्योच बळारी
आनी मागीर
एकएकट्यो घोणी

उंचा वेल्यान
आपापल्या घोंटेरांत परततना
म्हाका तुजी खूब याद येता
आमी दोगांय दर्यावेळेर बसतालीं
तेन्ना
वेळ मुठींतले रेंवे सारको
कितले बेगीन झरझरतालो!
आनी आमचीं पावलां ल्हारांनी भिजयलीं
तेन्ना हांव तुका म्हणटालों,
"आमी आयलीं कीं
रोखडीच भरती येता न्हय गो दर्याक?"

आतां हांव एकटोच दर्यावेळेर बसतां
दर्याक भरती येना आतां पयलीं भशेन

आनी ल्हारांय म्हजीं पावलां भिजयनात

30-3-2004

व्होल्त

केन्नाय वाटेर दिसलो जाल्यार
म्हाका पळोवन तूं हांसता
आनी हांवूय हांसतां
हांव जाणां
तुज्या मनांत कांय नासता
म्हाका पळोवन तूं ओगीच हांसता
पूण मागीर
आठ - धा पावलां मारतकच
म्हाका दिसता
म्हज्या पावलांत नवें बळगें येता
आनी म्हजीं पावलां सारकीं नीट पडटात

काळजांतल्या दर्याक भरती येता
मन कशें तरणें तरणें जायत वता
नदर निवळ जावन
सगळें नवें नवेंच दिसूंक लागता
रगताक कोंबरी फुटत वता
आनी कुडींत उजवाड फांकूंक लागता

तुका सगळें सांगचें म्हूण
हांव जेन्ना फाटल्यान पळेतां
तेन्ना तूं दिसना

वाटे वयलें व्होल्त काडून
तूं पयस पाविल्लें आसता

29-5-2004

शिरती

हांवें सायल्याच्या पानार
चार शब्द बरयले
आनी सायल्याचें पान
तुका धाडून दिलें
तुवें सायल्याच्या पानांत
नुस्तें गुठलायलें

हांवें हळडीच्या पानार
चार शब्द बरयले
आनी हळडीचें पान
तुका धाडून दिलें
तुवें हळडीच्या पानांत
पातोळी केली

हांवें पणसाच्या पानार
चार शब्द बरयले
आनी पणसाचें पान
तुका धाडून दिलें
तुवें पणसाचें पान लावन
पत्रावळ केली

हांवें केळीच्या पानार
चार शब्द बरयले
आनी केळीचें पान
तुका धाडून दिलें
तुवें केळीच्या पानार जेवन
धेंकर दिलो

आतां हांवें खूब केळी लायल्यात
दर एका पानाक
एक सोबीत शिरती
केन्नाय देवकारें आसल्यार
सांगून धाड
शिरत्यो धाडून दितां जाय तितल्यो

एक एक शिरती
म्हज्या काळजाची भरती

25-9-2004

अंतर

केन्ना तूं लागीं येता
केन्ना तूं पयस वेता

जेन्ना तूं लागीं येता
तेन्ना तूं पयस वेता कशें दिसता
जेन्ना तूं पयस वेता
तेन्ना तूं लागीं येता कशें दिसता

केन्ना हांव तुजे लागीं येता
केन्ना हांव तुजे पसून पयस वेतां

हांव तुजे लागीं येता
तेन्ना तूं म्हजे पसून पयस गेल्ले वरी दिसता
हांव तुजे पसून पयस वेतां
तेन्ना तूं म्हजे लागीं येता कशें दिसता

आमचे मदलें अंतर
उणें उणें जायत आसा?
काय चड चड जायत आसा?

5-11-2004

आयजूच

तुका हांवें ज्या मोराचे पीस दिलें
तो मोर आतां सोदून सांपडना
ज्या पोपटाक तुवें पेर खावयलें
तो पोपटूय पांजरो सोडून उडून गेला.
ज्या गुलमोहोराचे झडी पोंदा आमी फुलतालीं
ताका कोणें तरी हाणून उडयला

जे वेळेर आमी मेळटालीं
ती वेळ अथांग दर्यान गिळ्ळ्या
आमी जे शाळेंत शिकतालीं
ती आतां मोडून पडल्या

जे न्हंयेचे देगेर आमी बसतालीं
ती न्हंयूय आता कोंड जावन भरल्या

तूं आमगेर खूबदां येतालें
तें आमचें घरूय म्हाका परकें जालां
तुवें हो गांव केन्नाच सोडलो
हांवूय हो गांव सोडपाचो आसां
आयजूच

5-11-2004

पोले गोरे गोरे

पोले गोरे गोरे
आनी दोळे काळे काळे
मोगरेचे कळे कशे
रातीं फुलिले

कमर मोडी मोडी
आनी पदर वाऱ्यार सोडी
कुडींतुले प्राणु सायबा
मळबा हुबिले

ओंठु दोडी दोडी
आनी मोसंबीच्यो फोडी
अमुरपिके आंबे सायबा
कोणी खायिले

नदर वोली वोली
आनी काळीज सोली सोली
मरणां सात भोगून
पुनर्जल्मा येयिले

फागुराच्यो राती
आनी जोगुलांच्यो वाती
अस्तुरेचें रूप देखून
देवु भुलिले

6-11-2004

तुज्या दोळ्यांत

तुज्या दोळ्यांत
जेन्ना हांवें पळेलें
तेन्ना म्हाका अजाप दिसलें
मातयेचार दोंगर
आनी पाचवींचार झाडां
त्या झाडांचेर उडपी
रंगरंगी सुकणीं
दोंगरा मदसून खळखळपी न्हंय
आनी व्हांवत्या उदकाचो नाद
म्हज्या सपनाचें बिंब
तुज्या दोळ्यांत म्हाका कशें दिसता?

म्हाका दिसलो
ओंवळीचे खांदयेर बसून
केंकारी घालपी मोर
हांव देंवलों तुज्या दोळ्यांत

फुडें हजार दोळ्यांचो मोर
आनी हांव ताचे फाटल्यान
माड्डीत आसां
तुज्या दोळ्यांतलें सैम
वाटेर हीं कसलीं झाडां?
हात लायल्यार थरथरून फुलपी फुलां?
आनी ह्या फुलां पलतडी
लांब रुंद नितळ तळें
आनी तळ्याच्या उदकांत
आपलें रूप नियाळपी
धवी धवी तांबडीगुंज
शेंकड्यांनी साळकां
ओणव घेवन
त्या साळकाचे उमे घेवपी
नीळनिळश्या उजवाडाचे मळब

आनी हें कितें?
चारी वटयां काळोखसो दाटून येता
आगो
दोळे धांपूं नाका
दोळे धांपूं नाका
हांव हांगाच आडकून उरतलों
ह्या काळ्या काळ्या काळखांत
सासणाचो

12-11-2004

मोरपांखां

तुका मोरपांखांची खूब आवड
तुका घडये याद आसची ना
खूब वर्सां पयलीं
तुवें म्हाका एक मोरपांख दिल्लें

गांव सोडून वतना
तूं तें मोरपांख मागूंक आयिल्लें
हांवें तें साबाळून दवल्लेलें
खंय तरी
पूण त्या वेळार म्हाका तें सोदून सांपडना
मागीर निरशेवन
तूं रित्या हातांनी परत गेलें

एक दीस
झिरी झिरी पावस झिरझिरतालो
आनी तुजे यादीन
शिरी शिरी काळीज शिरशिरतालें

तेन्ना अचकीत
पोरणे डायरेंत
तें मोरपीस म्हाका गावलें
आनी तुजे म्हजे
पाचवे निळे खीण
काळजांत हुळहुळूं लागले

आयज तूं घोवा वांगडा
परत गांवांत आयलां
शिमेर सोबीत बंगलो बांदून वसलां
तेन्ना म्हळें
तुजें मोरपांख तुका पावोवचें
म्हूण हांव तुज्या दारार आयलां
वॉचमनान सांगलां
तूं खंय तरी भायर सरलां
पूण रोखडेंच येतलें
म्हूण हांव तुजी वाट पळेतां
इतल्यान
मोराची केंकारी कानार पडली
हांवें वॉचमनाक विचारलें
हांगा लागीं खंय तरी मोर आसा?
वॉचमनान गेटीक कुलप घालें

आनी म्हळें 'यो तुका दाखयतां'
बंगल्याचे दावे वटेन कितलेशेच पांजरे
हजार दोळ्यांच्यो हजारांनी नदरो
तांचीं मोरपांखां कितलींशींच
जळींमळीं मातयेंत
म्हज्या पांया पोंदा लेगीत
हांव फाटीं सरलों
तेन्ना कांय मोरपांखां पांयां पोंदा चिड्डलीं
इतल्या मोरपांखांचें तुमी कितें करतात?
वॉचमनान म्हळें
मोरपांखांचो कोयर काडू काडून आमकां वाज आयलो

हातांतली म्हजी डायरी
आनी तुजें मोरपांख घेवन हांव तसोच परतलों

14-11-2004

इंद्रधनुश्य

एके सांजे
सुर्या बुडपाच्या वेळार
आमी दोगांय एकठांय बसलेलीं
आनी गुलमोहर आमचेर पाकळ्यो झडयतालो
तेन्ना उदेंते वटेन
मळबभर इंद्रधनुश्य फुल्लें
तें पळोवन तूं भुल्लें
म्हजो हात धरून तुवें म्हळें,
म्हाका साडी हाडटा मरे इंद्रधनुशी?
तसली साडी मागीर हांवें सगले कडेन सोदली
पूण खंयच मेळ्ळी ना.
पयर एका प्रदर्शनाक गेल्ले कडेन
कोनशाच्या एका सोबीत दालनांत
सगळ्योच सातरंगी साडयो
खंयची घेवं आनी खंयची नाका
अशें म्हाका जालें
हांवें एकदम सात साडयो घेवन उडयल्यो
सगळ्यो तुकाच गो
पिशें खंयचे कडलें
हांव कितें साडयो न्हेसतां?

14-11-2004

रास

तुजे वांगडा खेळ्ळों हांव
तांबरेतीर पानां
मन मात घुसपलें
हुसकेच्या रानां

हुसकेचें रान जालें
दाट दाट दाट
सैरभर काळीज सोदी
वाट वाट वाट

तूं मागीर दिसलेंना
आंब्या पोंदा मेळ्ळेंना
जिविताचें तांबडें पान
तुजे बगर रंगलेंना

दीस गेले वर्सां गेलीं
अजून म्हाका दिसता
खंय तरी लिपून तूं
म्हाका पळोवन हांसता

तशेंच तूं, अशेंच तूं
हांस, हांस, हांस
म्हाका यादींची माड्डूं दी
रास रास रास

14-11-2004

दर्यादेगेर

सांजवेळेर दर्यादेगेर मेळुया
अशें हांवें तुका म्हणिल्लें

सांजवेळेर
दर्या जाता म्होंवाळ
आनी सुर्या जाता मोगाळ
ल्हारां खेळटात
बळारी उडटात
शितळ वारो आंगाक झोमता
मेळटा ताका वेंगेंत घेवंक सोदता
ल्हान ल्हान कुल्ल्यो
बिळांतल्यान भायर सरून

आपालिपा खेळटात
सुर्या अस्तमता
तशें मळब लजुलजून तांबडेंलाल जाता
दर्यार गेल्लीं व्हडीं परततात
घरचे यादीन
दर्यादिगेर सपनां फुलतात
अणभवाच्यो काणयो रंगतात

सांजवेळेर दर्यादिगेर मेळुया
उलयन दिसलें तर उलोवया
नाजाल्यार ल्हारां उलयतात तें आयकुया
ल्हारां सांगतात त्यो काणयो
आयकून हांसू हांसून तुज्या
दोळ्यांत दुकां येतलीं

तर येता मुगो सांजवेळेर,
दर्यादिगेर?

21-11-2004

पावस - २

आयचीच गजाल
पावसाचे दीस पूण पावसूच ना
सुकें सुकें मळब
हांव कामाक भायर सरलां
इतल्यान थंड थंड वारो सुटलो
आनी ताच्या फाटल्यान
काळीं काळीं कुपां मळबभर
चार पावलां मारता म्हणसर काळोख दाटलो
आनी मोट्या थेंब्यांचो पावस ओतूंक लागलो
रस्त्या वेले लोक
हेवटेन तेवटेन कडसरले
आनी हांव एकलोच
खंयच घर ना, झाड ना, आडोस ना

पावसान म्हाका भिजय भिजय भिजयलो
मागीर हांवें भिजलेल्या काळजान पावसाक म्हळें
'आतां आनिकूय भिजय म्हाका'
आनी हांवें हात फुडें केले
फुडें केल्ल्या हातार हांवें पावसाचो थेंबो झेल्लो
थेंबो पळोवन म्हाका सट्ट जालें

हो तर सारको तुज्या दुकाचो थेंबो
आनी हो पावसूय तुजोच
तुवेंच धाडिल्लो
इतले दीस हांव तुका मेळूंक ना म्हूण
हांव आनीक कितलो पिसो?
आतां असोच तुजी वाट धरतां

तुजे घरा पाव म्हणसर कपडे मात सुकल्यार पुरो.

2-12-2004

दोन दुकां

तुवें वता आसतना सांगिल्लें
आपली याद आयली जाल्यार
दोन दुकां गळय

आतां मजा पळय
तुजी याद आयली जाल्यार
दोन दुकां न्हय
एक्कूय दूक गळना

काल दोतोरा कडेन गेल्लों
ताणें सांगलें - तुजीं दुकां सुकलीं
आनी कोणाची तरी याद केळय
आनी दुकां गळटा जाल्यार पळय
हांव आनीक दुसऱ्या कोणाची याद काडटलों?
तुजे फाटल्यान लागून
दुसऱ्या कडेन लक्षूच गेलेंना
तुजे फाटल्यान लागून
आयुश्याची माती जाली पळय

तुवें वता आसतना सांगिल्लें
आपली याद आयली जाल्यार
दोन दुकां गळय

17-12-2004

जाणीव

पावल जशें पडत वता
तशी वाट वाडत वता
पांयांत अचकीत कांटे मोडटात
दूख सामकी कपलांत
कुशीक फातरार बसून कांटे काडटां
चलतना गुंड्यांक आपटून
पांय सोलतात
वत सोंसूं नजो
उज्याचो हुलप
खंयच सावळी दिसना
पांयांक फोड आयल्यात
जीव तानेला
उदकाचो थेंब गावना

रातची मात
उकत्या मळबा पोंदा
थंडसाण गोठेता
खंय तरी कुडकुडत पडचें पडटा
वाटेर मर्दींच
उटंगार पावस आनी वादळांत
सगळेंच हुमटून व्हेल्लेवरी

तुज्या घरची वाटूच सोंपना

पूण तुका मेळटलोंच म्हूण
पावलां मारतां तेन्ना
हें सगळें सोंसचेंच पडटलें
हाची म्हाका जाणीव तरी आसली काय?

24-4-2005

विसर

वतना तुवें
म्हजे कडल्यान उतर घेतिल्लें
आतां सगळें सगळें विसरपाचें

त्या दिसा तूं
पाचव्या पदराची निळी साडी न्हेशिल्लें
तें हांव विसरलों
म्हजी नदर लागची न्हय म्हूण
तुवें दोळ्यांत काजळ घाल्लें
तें हांव विसरलों

त्या दिसा तुजे खातीर हाडिल्ली
मोगरे फांती
हांवें तुज्या केंसांत माळिल्ली
तेंय हांव विसरलों
निमाण्या वेळार तूं म्हजे वेंगेंत आयलें
तेन्ना तुजें काळीज खूब धडधडटालें
तेंय हांव विसरलों
तुज्या काळ्या तिकलेच्या दोळ्यांत
उदक भरिल्लें
तेंय हांव विसरलों

वतना तुजीं पावलां जड जाल्लीं
म्हाका दिशिल्लें तूं परतून धांवत येतलें
पूण तूं मोन्यांनी तशेंच गेलें
तेंय हांव विसरलों
तूं वतना तुज्या पांयजणांचो नाद
तुजे वांगडा विरून गेलो
तूं जेन्ना हांसतालें
तेन्ना तुज्या पोल्यार खळी पडटाली
तूं लजतालें
तेन्ना तांबडीं शब्दुलीं फुलतालीं
सगळें सगळें हांव विसरलों

आतां तूंच सांग
आनीक कितें उरलां विसरपाचें?

25-4-2005

निळो गुलाब

शिरशिरत्या पारजता पोंदा
पयसुल्ल्यान देवळांतले घांटीचो आवाज
हांवें तांबडो गुलाब तुज्या हातांत दिलो
आनी तुका विचारलें - 'म्हजे वांगडा लग्न जाशी?'
तूं हांसलें
मागीर तुवें म्हळें - 'पूण म्हजी एक अट आसा'
हांवें विचारलें - 'कसली?'
निळनिळशा मळबा कडेन पळेत
तुवें म्हळें - 'तूं म्हाका निळो गुलाब हाडून दिशी
जाल्यार हांव तुजे लागीं लग्न जातां'

तेन्ना सावन
हांवें तो निळो गुलाब सोदलो मेळटा थंय
पिशावरी हांगा थंय भोंवत
सोदतां सोदतां वर्सां गेलीं
म्हाका मात कळ्ळेंच ना
मागीर तुज्या घरा हांव गेलों
तुका सांगपाक
निळो गुलाब मेळना म्हूण
तुजे आवयन सांगलें
तुजें लग्न जावन तूं केन्नाच घोवाघरा पावलें
पूण ते उपरांत
म्हजी नदर त्या निळ्या गुलाबाक सोदीत आसा
फुलांच्या दर एका प्रदर्शनांत
म्हाका विश्वास आसा
खंय तरी तो निळो गुलाब आसतलोच
नाजाल्यार म्हजे कडेन तूं निळो गुलाब
कित्याक मागतलें आसलें?
केन्ना तरी, हांव तो निळो गुलाब घेवन
तुज्या घरा आयलों
तर म्हाका पळोवन तूं हांसचें ना मुगो?
इतल्या वर्सांनी आयलों म्हूण

1-10-2006

ओगीच न्हय

तूं गेल्यार जरी वर्सां जालीं
तरी तूं म्हाका येतलें कशें दिसता

तूं चलतालें ती वाट फुल्ल्या
तूं बसतालें तें घर नटलां आजून
तूं सजतालें तो हारसो तुका तोखेता
तुवें लायिल्ली रातराणी घमघमता
तुवें रोयिल्लो पारजत झडटा
तुवें लायिल्ली तांबडी दसण हांसता
तुवें हाडिल्लो कीर पांजऱ्यांत साद घालता
तुवें शिंपिल्लो आंबो चंवरता
तुवें रोयिल्लो माड आतां फळटा
तूं जाचे सावळेंत बसतालें
तो सोनचाफो भरभरून परमळटा
दोंगरा वेलो मोर सांजवेळा
केंकाऱ्यो घालीत आसता
ह्या सगळ्या वांगडा हांवूय तुजी वाट पळयत आसां
म्हाका तूं येतलें कशें दिसता
तें ओगीच न्हय

1-10-2006

वडा पुनव - 1

हांवें तुका सांगलें
वडापुनव करूं नाका
सात जल्म कित्याक त्रास?
तुका आनी म्हाका

वडा पुनव - 2

आगो भायर तरी यो
आतां तूं दर पुनवे दिसा
वडापुनव कर
हो पळे
हांवें वडूच हाडून लायला
आमचे तुळशी मुखार

7-3-2001

भेट

हांवें कांय थारावंक नासलें
तरी हांव हांगा पावलों
तुवें कितें थारायिल्लें
हांव नकळों
तरी तूंय बी हांगाच पावलें

16-1-2003

जिवीत

हांव हांसलों
हांव हांसतां तें पळोवन
तूंय बी हांसलें
हांव फसलों
आनी तूंय बी फसलें

ही गजाल हांवें
आमच्या बायक सांगली
तेन्ना तेंय बी हांसलें

आगो, हेंय बी फसतलें दिसता
आनी आपल्या वांगडा
आनीक एकट्या बावड्याक
फसयतलेंशें दिसता

23-2-2003

राग

म्हाका तुजो इतलो राग आयला म्हूण सांगूं?
आता हांवें सामकें थारायलां
तुका हांवें मळबा रंगाची नखेत्रांचे डिझायन आशिल्ली
जी रेशमी साडी हाडल्या
ती तुका दिवपाचीच ना

आनी तुका सांगिनासतना
हांव तुजे खातीर वज्रावेडी करूंक दिल्ल्यो
त्यो फाल्यां शेटी कडल्यान हाडटलों पूण
डायरेक्ट लॉकरांत दवरतलों
आनी चावीय बी लिपोवन दवरतलों

फाल्यां तुजे इश्टिणीच्या वाडदिसाक
तर तुजे बरोबर कस्सोच येवचों ना
फाल्यां तुवें जायो हाडूंक सांगल्यात,
त्योय बी हजारांनी फुल्ल्यो
तरीय एक्कूय हाडचों ना.

परवां तुजे वांगडा पिकनिकेक वचपाचो
बेत कॅन्सल

आज सांजे तुजे बराबर फिरूंक वचपाचें
आनी तांबडो गुलाब घेवन
तुज्या केंसांत माळपाचेंय विसर तूं

तूं दोळ्यांत काजळ घाल
ना जाल्यार चॅरी ब्लॉसम ब्लॅक
तुज्या दोळ्याक दोळो दिवचों ना

आनी आमचे मोटारींत हांगा थंय
तुका मिरोवपा खातीर
दुसरो ड्रायव्हर पळे फुकटो
आपले पयशे मोडून पेत्रोल घालपी

म्हजे आवडीचें सुंगटांचें हुमण
आनी विसवणाचें पोशत तळ्ळ्यार लेगीत
आयज हांव जेवपाचों ना

जाता कितें?
म्हाका राग आयलो की
कडकडून भूक लागता
हुनहुनीत शिता वांगडा सुंगटांचें आंबली
घालून केल्लें आंबटतीख हुमण
आनी करकरीत तळिल्लें विसवणाचें पोशत
आतां खंयचे खानावळींत मेळटलें काय?

14-11-2004

संवसार

म्हाका बायलेचो सामको राग मारलो
हांवें बायलेक म्हळें - तूं खेतीण
पळेतां पळेतां म्हजी बायल खेतीण जाली
हातांपांयांक लांब लांब नाखटां
बायल तिडकली
उज्याचे ज्वाले प्रमाण थरथरूंक लागली
तिणें उतर शेंवटून म्हाका म्हळें - 'तूं माकड'
कितें जालें कोण जाणा
म्हज्या आंगाक भराभरा केंस फुटले
फाटसून दोन तीन हात शेंपडी भायर सरली
हात किडकिडीत जावन काळसर जाले
पोले पडले
दोळ्यांच्यो खांचो जाल्यो
हांव धव्या केंसांचो काळो माकड जालों
रागान हातांपांयांचेर घांवत
बायल म्हजे फाटल्यान लागली

हांव फुडें
बायल फाटल्यान
बायलेन नाखटां मारुमारून
म्हाका रक्तबंबाळ केलो
फाटीच्यो साली काडल्यो
घांस मारून कुल्याचो कुडकोच काडलो
फकत भांडवल उरलें शाबूत

हांवें बायलेच्या पांयार घालून घेतलें
आनी म्हळें तूं तर मनसुंदरी
आ ऽऽ आ ऽऽ सुरंगेकळी रुपचंदुरी'
बायल सरसर सुंदर जायत गेली
सर्गांतली अप्सराच कशी

बायल हांसली
तिणें म्हाका म्हळें
'तूं तर म्हजो राजकुंवर'
हांव बदलत गेलों
हांव जालों राजबिंडो राजकुंवर

मागीर आमी दोगांय जाणां
गुलू गुलू गुलू गुलू गजाली करीत बसलीं
दोळ्यांतल्या दोळ्यांनी
ओंठांतल्या ओंठांनी

28-8-2007

पयली उजवाडावणी

1) आयज आयलो ऋतु वसंत. . . . . . कोंकण टाईम्स, जानेर-मार्च 1986
2) काळजांत तुजी याद घेवन गो . . . . कोंकण टाईम्स, जानेर-मार्च 1986
3) मेथयेचें झाड . . . . अेका झाडाक घर जाय 1989
4) सोद . . . . अेका झाडाक घर जाय 1989
5) पाखो. . . . . अेका झाडाक घर जाय 1989
6) सदाफुली. . . . . अेका झाडाक घर जाय 1989
7) रातराणी . . . . अेका झाडाक घर जाय 1989
8) चुकामूक . . . . अेका झाडाक घर जाय 1989
9) वसंत. . . . . सुनापरान्त 6-10-2002
10) मोगाबांदारी . . . . सुनापरान्त 5-1-2003
11) काळजांत म्हज्या . . . . --------------
12) तूं गो आयलेंना. . . . . सुनापरान्त 5-1-2003
13) जाल्यार . . . . सुनापरान्त 23-2-03
14) रेंवेंतलीं पावलां. . . . . सुनापरान्त 16-2-03
15) दुबाव. . . . . सुनापरान्त 18-5-03
16) गांठ . . . . सुनापरान्त 21-9-03
17) भलायकी. . . . . सुनापरान्त 1-2-04
18) ना . . . . बिंब दिवाळी 2003
19) आतां. . . . . सुनापरान्त 9-3-2003
20) स्वास. . . . . कोकण टायम्स जून 2004
21) लॅन्स . . . . कोकण टायम्स जून 04
22) कळो . . . . फेब्रुवारी - मार्च 2004

23) सांज . . . . फेब्रुवारी - मार्च 2004
24) मळब. . . . . ऋतु नोव्हेंबर - डिसेंबर 2003
25) नाद. . . . . ऋतु नोव्हेंबर - डिसेंबर 2003
26) रातभर . . . . ऋतु नोव्हेंबर - डिसेंबर 2003
27) मोगाचे रूख . . . . ऋतु नोव्हेंबर - डिसेंबर 2003
28) पावस - 1. . . . . ऋतु पावसाळी अंक 2004
29) तें येतलें आज . . . . कोकण टायम्स् जून 2004
30) मोग किनारी . . . . ऋतु शिशिर अंक 2005
31) वाटेवयलीं झाडां . . . . ऋतु मार्च - एप्रिल 2004
32) रक्तफुलां . . . . कोंकण टायम्स दिवाळी 2004
33) हो चंद्र तुजो . . . . सुनापरान्त
34) वेळेर . . . . ऋतु मार्च - जून 2006
35) दर्या . . . . ऋतु मार्च - एप्रिल 2004
36) वचूं नाका परत सखी. . . . . कोंकण टायम्स जानेर - मार्च 2005
37) राधेकृष्ण . . . . कोंकण टायम्स जून 2004
38) सांगप . . . . ऋतु मार्च - एप्रिल 2004
39) वेळ . . . . ऋतु मार्च - एप्रिल 2004
40) व्होल्त . . . . ऋतु दिवाळी 2004
41) शिरती . . . . जाग दिवाळी 2004
42) अंतर . . . . -----------
43) आयजूच . . . . --------
44) पोले गोरे गोरे. . . . . सुनापरान्त 28-11-04
45) तुज्या दोळ्यांत . . . . ऋतु मार्च - जून 2006
46) मोरपांखां . . . . कोकण टायम्स दिवाळी 2006
47) इंद्रधनुश्य . . . . कोंकणी दिवाळी 2005

48) रास. . . . . कोकण टाईम्स दिवाळी 2003

49) दर्यादिगेर . . . . जाग सप्टेंबर 2005

50) पावस - 2. . . . . ऋतु मार्च - जून 2006

51) दोन दुकां. . . . . ऋतु शिशिर आंक पौष माघ 2005

52) जाणीव. . . . . कोंकण टायम्स दिवाळी 2005

53) विसर. . . . . ऋतु मार्च - जून 2006

54) निळो गुलाब . . . . जैत दिवाळी 2008

55) ओगीच न्हय . . . . कुळागर दिवाळी 2006

56) वडापुनव . . . . जाग, एप्रिल 2003

57) भेट. . . . . जाग, फेब्रुवारी - मार्च 2004

58) जिवीत . . . . सुनापरान्त

59) राग . . . . जाग एप्रिल - मे 2006

60) संवसार. . . . . कोंकण टाईम्स, विशेश अंक 2007

अरुण साखरदांडे हांची वळख

नांव ....: अरुण साखरदांडे

जल्म ....: 8 सप्टेंबर 1948

शिक्षण ....: एमकॉम, एलएलबी, एचडीसी.

वेवसाय ....: प्राचार्य, नारायण झांट्ये कॉलेज ऑफ कॉमर्स, दिवचल-गोंय

उजवाडाक आयिल्लीं पुस्तकां : 1) एका झाडाक घर जाय (कविता) 1989
2) कावळ्याचें स्राद्ध (कविता) 2007
3) मोग किनारी (कविता) 2008

पुरस्कार ....: 1) कोंकणी भाशा मंडळ साहित्य पुरस्कार 2008 (कावळ्याचें स्राद्ध)
2) जनगंगा साहित्य पुरस्कार - 2008 (कावळ्याचें स्राद्ध)

नामो ....: **राबितो :**
काव्यांगण,
सी-3 बॅप्सीन रेसिडन्सी, वीज खात्या लागीं
अन्साभाट, म्हापशें - गोंय-403507
दूरध्वनी : 0832 - 2253241
कार्यालय :
नारायण झांट्ये कॉलेज ऑफ कॉमर्स,
वाठादेव, सर्वण, दिवचल - गोंय
दूरध्वनी : 0832 - 2361377

मोग किनारी

दर्यावेळेरी
काळजा देगेरी
ऊड गे बळारी
मोग किनारी

तना तनेरी
दोळ्यां दोळेरी
नदरे पेल्यारी
मोग किनारी

पावसा झडेरी
उतरां मोनेरी
थेंब्या थेंब्यारी
मोग किनारी

सपना कडेरी
दुखां सुखेरी
जिणे वाठारी
मोग किनारी

उदका फेणेरी
चान्नें कणेरी
मळबा देंठारी
मोग किनारी

फात्यां पारारी
कोंब्या सादारी
ओंठां ओंठांरी
मोग किनारी

अरूण साखरदांडे